# नितीन गडकरी हांचे हस्तुकीं टेलेमेडिसीन सेवेचें उक्तावण

ता. 1 नोव्हेंबर 2021

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री श्री. नितीन गडकरी हांणी आयज बांबोळे गोंय वैजकी म्हाविद्यालयांत मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या उपस्थितीत टेलेमेडिसीन सेवेचें उक्तावण केलें.

ह्या वेळार भलायकी मंत्री श्री. विश्वजीत राणे, आमदार श्री. टोनी फर्नांडिस, श्री. फ्रान्सिस सिल्वेरा, भलायकी सचीव श्री. वाय. व्ही. व्ही. राजशेखर, भलायकी सेवा संचालक डॉ. आयरा आल्मेदा, गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाचे डीन डॉ. एस. बांदेकर, श्री. धिरज शर्मा, अतुल शिरोडकर आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयताना श्री. गडकरी हांणी गरीब लोकांक आनी खास करून भलायकीची काळजी घेवपाच्यो सुविधां नाशिल्ल्यांक थाकाय दिवपाखातीर आधुनिक तंत्रज्ञान आनी वैजकी मळावयल्या तज्ञांच्या सहकार्यान उपयुक्त अशा टेलेमेडिसीन डिजिटल सेवेची सुरूवात केल्ल्याचें सांगलें. वैजकी मळार अशी सेवा उपयुक्त आसून आयज गोंयच्या लोकांखातीरय ती उपलब्ध केल्ले खातीर तांणी राज्य सरकाराचे अभिनंदन केले. आयज बाजारांत वखदांचो दर वाडत आसा आनी त्या खातीर आमी ह्या क्षेत्रात चड स्पर्धात्मक जावपाची गरज आसा. आयज जेनेटीक वखदां उपलब्ध जाल्ली आसून वखदांची किंमत कमी जावपाक ताचो हातभार लागतलो. गरीब लोकांक वैजकी सुविधां आनी वखदां उपलब्ध करप भलायकीच्या दृश्टीन तीतलेच म्हत्वाचे आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

श्री. गडकरी हांणी गोंयांत कोवीड वासिनीकरण मोहिम यशस्वी पणान राबयिल्ले खातीर राज्य सरकाराचे अभिनंदन करून गोंयांन वासिनीकरणाबाबतीत विक्रम केल्ल्याचे म्हणलें.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंय राज्यांत साधनसुविधां निर्माण करपा खातीर केंद्र सरकारान म्हत्वाचे योगदान दिल्ल्याचे सांगून केंद्रीय मंत्री श्री. नितीन गडकरी हांणी लागी लागी 12,000 कोटी खर्चाचे वेगवेगळें विकास प्रकल्प गोंयाखातीर मंजूर केल्ले आसून ह्या विकास प्रकल्पांची कामां चालू आशिल्ल्याचे सांगलें.

मुख्यमंत्र्यान हो प्रकल्प सीएसआर कार्यक्रमाखाला एका वर्साच्या काळाखातीर सुरू केल्लो आसून तो फुडें चालू दवरतले. ह्या सेवेचो लोकांक बरो फायदो जातलो, अशेंय सांगलें.

भलायकी मंत्री श्री. विश्वजीत राणे हांणी टेलेमेडिसीन सेवेचे म्हत्व उक्तावन गोंय वैजकी म्हाविद्यालयांतल्या भलायकी सेवांनी वाड जावपाक मजत जातली, अशें सांगलें.भलायकी सुविधां लोकांच्या दारामेरेन पावोवपाचे सरकाराचे प्रयत्न आसा, अशेंय तांणी सांगलें.

मेडिको एक्सपर्टचे संचालक श्री. धिरज शर्मा हांणी टेलेमेडिसीन सेवेची म्हायती दिली.

सुरवातीक गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाचे डीन डॉ. एस. बांदेकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

भलायकी सचीव श्री. वाय. व्ही. व्ही. राजशेखर हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/913

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji